Panaji National

Akashvani News

6.30 pm

Pm 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मकर संक्रांती, उत्तरायण, माघ बिहू निमतान राष्ट्राक परबीं भेटयल्यात . मकर संक्रांतीचो उत्सव सगळ्यांचें जिवीत सुख, भलायकी, आनी खूशालकायचो आसचो अशी आस्त तांणी उक्तायल्या. तशेंच समृध्दी आनी सकारात्मकतायेची सुरवात करतना सगळ्यांनी एकठांय येवपाचीं गरज आसा अशे तांणी सांगलें . माघ बिहू कापणी, एकचाराची खोस मनयतात अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. उपकाराची आनी एकचाराची भावना देशाक उजवाड आनी समृध्द फुडारा कडेन मार्गदर्शन करत रावची अशीय आस प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायल्या.byte festival

Pm 125

आयज नवी दिल्लींतल्या केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री एल मुरुगान हांच्या निवासस्थानी आयोजीत केल्ल्या पोंगल उत्सवांत वांटो घेवन सभाघरांक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री हांणी राष्ट्र निर्मितींत शेतकार घटमूट भागीदार आसात आनी तांच्या यत्नांक लागून आत्मनिर्भर भारत मोहीम सशक्त जाता अशें तांणी मुखार सांगलें . शेतकारांक सशक्त करपा खातीर केंद्र कटिबद्ध आसा आनी हे दिकेन अथक परिश्रम घेता अशें तांणी सांगलें.पोंगल ही जिवंत तमिळ संस्कृताय मनयता आनी सैमा कडेन संबंद दवरता अशें तांणी सांगलें. पोंगल आतां संवसारीक उत्सव जाला, आनी देशांतल्या शेतकारांच्या कश्टाची परब मनयतात अशें तांणी सांगलें. मातयेची भलायकी सांबाळपाची, उदकाची जतनाय घेवपाची आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर साधनांचो विवेकबुद्दीन वापर करपाची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो. मिशन लायफ, एक पेड माँ के नाम, अमृत सरोवर सारकिले उपक्रम हे ह्या भावनाक चालना दितात अशें तांणी सांगलें.

Rajnath

सशस्त्र दळांतले माजी सैनिक हे सामुहीक धैराचे आनी  राश्ट्रीय जाणविकायेचे  खांब आसात आनी , सामुहीक धैराचे प्रतीकआसात आनी , फुडल्या पिळग्यां खातीर प्रेरणा स्रोत अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींत सशस्त्र दळांच्या माजी सैनिक  दिसा मार्गदर्शन करतना मंत्री राजनाथ सिंग हांणी सांगलें . माजी सैनिक  राष्ट्र निर्मितीच्या दरेका आघाडींत योगदान दितात आनी शिस्त, फुडारपण, धैर्य अशा आपल्या गूणधर्मांनी समाजाक मार्गदर्शन करतात अशे तांणी म्हणले .

Misri 111

विदेश वेव्हार सचीव विक्रम मिसरी हांणी आयज नवी दिल्लींत चीन कम्युनिस्ट पक्ष संस्थेच्या केंद्रीय समितीच्या आंतरराष्ट्रीय खात्याची उपमंत्री Sun Haiyan हांची भेट घेतली . वेवसाय आनी लोक केंद्रीत संलग्नतायेक प्राधान्य दिवन द्विपक्षीय संबंद स्थीर  करपाच्या मळार जाल्ली प्रगती, आनी नव्या वर्सा द्विपक्षीय संबंद मुखार व्हरपाचे मार्ग हांचेर दोगांयनी चर्चा केल्या अशें विदेश वेव्हार  मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां. बसके वेळार दोनूय वटांनी आपल्या फुडाऱ्याक  चालीक लावपाची, आनी द्विपक्षीय संबंद सामान्यीकरणाच्या मार्गाचेर मुखार व्हरपाची वचनबद्धताय बद्दल सांगले . दोनूय देशांतल्या लोकां मदीं संबंद घटमूट  करपा खातीर दोनूय देशांतल्या लोकां मदीं समजूत वाडोवपाचें म्हत्व विदेश वेवहार  सचीवानी नदरेक हाडलें. द्विपक्षीय संबंद सुदारपा खातीर योग्य वातावरण तयार करपा खातीर सकारात्मक पावलां उबारपाची गरज तांणी उक्तायली.

Loksabha 93

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी आयज त्रिनिदाद आनी टोबॅगोच्या प्रतिनिधी सभाघराचे अध्यक्ष जगदेव सिंग हांचे वांगडा  संवाद सादलो .  तशेंच सेशेल्सच्या राश्ट्रीय सभेच्या अध्यक्ष आझारेल अर्नेस्ता हांचेकडेन ताची भेट जाली. राष्ट्रकुलाच्या 28व्या सभापती आनी अध्यक्ष अधिकारी परिशदेच्या कडेक ह्यो बसका जाल्यो .

Sports 33

भारत उक्त्या बॅडमिंटन सर्तींत पयल्या संवसारीक क्रमांकचेर किदम्बी श्रीकांत हानी दादल्यांच्या एकेरी फेरयेंत 15-21, 21-6, 21-19 जैत मेळयला.

फाल्यां मेरेन पंजाब, हरियाणा आनी चंडीगढ हांगा थंड ल्हारां ते खर थंड ल्हारां मेरेनची परिस्थिती आसतली अशें भारत हवामान खात्यान आयएमडीन सांगलां.